आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरो

**Date :17/03/2026** **7.20 pm**

मुखेल खबरो

- गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू आनी मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी आयज आदल मुखलमंत्री **S** मनोहर पर्रीकारा हांका पुण्यतिथी नीमतान आर्गा ओपली.
- फोंडे पोटवेंचणुकेची तयारी सरकारी पांवड्यार सुरू जाल्या .
- राज्यसभाचे खासदार सदानंद शेत तनावाडे हांणी चित्रपट, वेब मालिका, दूरचित्रवाणी कार्यावळी आनी ओटीटी प्लॅटफॉर्मांत तंबाखूच्या सेवनाचें चित्रण वाडत आशिल्ल्यान सभाघरांत हुस्को उक्तायला.
- कला अकादमी आयोजित ब गट नाट्य सर्तीचो निकाल घोषित जाला

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी आयज आदल मुखलमंत्री मनोहर पर्रीकारा हांका पुण्यतिथी नीमतान पणजे मिरामार स्मृती स्थळाचेर वचुंन आर्गा ओपली. संरक्षण प्रशिक्षणांत बायलांचो आस्पाव करपाक मेळचो म्हूण मनोहर पर्रीकार हाणी केल्ली मुखेल भुमिका राज्यपालान याद केली. नॅशनल डिफेन्स अ‍ॅकॅडमी बायलां खातीर उक्ती जातकच प्रशिक्षण सुविधा वाडोवपाची टप्प्याटप्प्यान येवजण आंखल्या अशें तांणी सांगलें. ताच्या योगदानाचो उगडास करून राज्यपालान उपकार मानले आनी तांकां श्रद्धांजली दिली.

जाल्यार मनोहर पर्रीकार हे गोंयच्या उदरगतीचे प्रणेते आशिल्ले,तांणी संरक्षण मंत्री ह्या निमतान देशाखातीर महत्वाचे काम केला अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

ह्यावेळार राज्याचे मुखेल सचिव वी .कान्दावेलु, उत्पल पर्रीकार तशेंच भाजपा पक्षाचे कार्यकर्ते हाजीर आशील्ले

५५ Pib केंद्रीय घर आनी सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी आयज आदले संरक्षण मंत्री आनी गोंयचो आदले मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकार हांच्या पुण्यतिथी नीमतान तांका आर्गा ओपली.कट्टर राष्ट्रवादी आनी स्वभावान नम्र आशील्ल्या पर्रीकारजीचें जिवीत आनी देशाक ताणें दिल्लें योगदान सदांच याद उरतलें. एक लोकनेता म्हूण ताचो दायज फुडल्या पिळग्यांक सदांच प्रेरणा दितलो.अशे समाज माध्यमावेलाय संदेशांत ताणी म्हणला.

केंद्रीय वेंचणूक आयोगान 9 एप्रील 2026 दिसा फोंडेची पोटवेंचणूक जातली अशें जाहीर केलां. ते प्रमाण सरकारी पांवड्यार वेंचणुकेची तयारी सुरू जाल्या. आयज दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी एगना क्लिटस हाणी मडगाव हांगाच्या माथानी सालढाना प्रशासकीय इमारत सभाघरांत नोडल आनी संपर्क अधिकाऱ्यांची बसका घेतली आनी तांचे कडेन वेंचणुके विशीं चर्चा केली. ह्या वेळार अतिरिक्त जिल्लोधिकारी श्रीनेत कोठवाले, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी रमेश गांवकार आनी वेगवेगळ्या खात्याचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले. ह्या वेळार मतदान कर्मचाऱ्यांची नेमणूक, तांची उपलब्धताय, वेगवेगळ्या सरकारी खात्यां मदलो समन्वय, वेंचणूक आयोगान जारी केल्ल्या मार्गदर्शक तत्वां आनी नेमांक पाळो दिवप आनी मतदान प्रक्रिया कशी सोपी आणि सुटसुटीत करप हाचेर चर्चा जाली.

वेंचणूक आयोगान जाहीर केल्ल्या प्रमाण हे वेचणुकेचे उमेदवारी अर्ज 23 मार्च 2026 मेरेन भरपाक मेळतले. अर्जांची तपासणी 24 मार्चाक जातली. अर्ज फाटीं घेवपाची निमाणी तारीख 26 मार्च असून 9 एप्रिल ह्या दिसा मतदान जातले. मतांची मेजणी 4 मे 2026 दिसा जातली.

फोंडा मतदारसंघाच्या पोटवेंचणुके खातीर कॉंग्रेस पक्षाची उमेदवारी डॉ. केतन भाटीकार हांका फावो जाल्या. कॉंग्रेसीचे राष्ट्रीय अध्यक्ष मल्लीकार्जुन खर्गे हांणी डॉ. केतन भाटीकार हांचे नावाक मान्यताय दिल्याचे पक्षान कळीत केलां. फोंडा मतदारसंघा खातीर 9 एप्रीलाक पोटवेंचणूक जातली. प्रदेश कॉंग्रेसीच्या वेंचणूक समितीन डॉ. केतन भाटीकार हांका उमेदवारी दिवपाची शिफारस केंद्रीय नेतृत्वाक केल्ली. 23 मार्च हो उमेदवारी अर्ज सादर करपाचो निमणो दिस आसा.

राज्यसभाचे खासदार सदानंद शेत तनावाडे हांणी चित्रपट, वेब मालिका, दूरचित्रवाणी कार्यावळी आनी ओटीटी प्लॅटफॉर्मांत तंबाखूच्या सेवनाचें चित्रण वाडत आशिल्ल्यान सभाघरांत हुस्को उक्तायलो आनी ताचो तरणाट्यांचेर जावपी परिणामा कडेन लक्ष ओडलें. अशा सामुग्रीचो भुरग्यांचेर आनी तरणाट्यांचेर व्हड परिणाम जाता अशें तांणी सांगलें; खास करून लोकप्रिय कलाकार तंबाखू खातात अशें दाखयतात तेन्ना धूम्रपान ही ‘सामान्य गजाल’ अशी धारणा चड करून निर्माण जाता. वेगवेगळ्या माध्यमांतल्यान तंबाखू संबंदीत व्हिज्युअलांचें प्रमाण वाडून लाखांनी लोकांक हानीकारक संदेशांक तोंड दिवचें पडटा अशें तनावाडे हांणी नदरेक हाडलें. अशा व्हिज्युअलांचो परत परत संपर्क आयल्यार धूम्रपान सुरू करपाची आनी निकोटीनाचें व्यसन जावपाची शक्यताय वाडटा अशी शिटकावणी तांणी वेगवेगळ्या अभ्यासांचो उल्लेख करून दिली. अशा चित्रांक आळाबंदा हाडपा खातीर आनी भुरग्यांची आनी तरणाट्यांची भलायकी राखपा खातीर बेगोबेग पावलां उबारचीं अशें तांणी सरकाराक उलो मारला.

राष्ट्रीय आयुष मिशन’ खाला दोन ‘एकात्मिक आयुश हॉस्पिटलांक’ मान्यताय मेळोवन गोंय आपली पारंपारीक भलायकी वेवस्था घटमूट करपाक तयार आसा. आयुश मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण

पर्यायी वैजकी उपचारांची उपलब्धताय आनी पोहोच सुदारपाच्या हेतान  देशभरांतल्या विस्ताराचो एक भाग हीं हॉस्पिटलां आसात.

2014-15 वर्सा सुरू जाल्ली ही येवजण राज्यांनी आपल्या 'राज्य वर्सुकी कृती येवजणेंत' सादर केल्ल्या प्रस्तावांचेर आदारीत हॉस्पिटल आनी क्लिनीकां सयत आयुश मुळावी बांदावळ विकसीत करपाक राज्यांक आदार दिता. देशभरांत आतां मेरेन वट्ट 203 एकत्रीत आयुश हॉस्पिटल आनी 383 आयुश क्लिनीकांक मान्यताय मेळ्ळ्या. ह्या मिशनांतल्यान मान्यताय मेळिल्ल्या प्रकल्पांची अंमलबजावणी करपाक आदार दिवपा खातीर केंद्र सरकारान चालू अर्थीक वर्सा 424 कोटी रुपयां परस चड निधी दिला

परतून सोद घेवपा खातीर विराम घेवप हें मनाची नदर बदलपाचें नवें पावल आसूं येता. गोमंतकिया तरणाटी लेखिका सुविधा मडकाईकार हाच्या पयल्या पुस्तकाच्या "तिची कथा परतून बरोवप" ह्या पुस्तकाच्या विमोचन सुवाळ्यांत मुखेल सोयरे म्हूण उलयतना नामनेचो अर्थ संचालक पल्लवी सालगांवकार हांणी फोंडांत सांगलें. पुस्तकाचें दरेक पान वाचप्याक अंतर्निरीक्षण करपाक लायता आनी प्रबुध्द करता आनी प्रेरणा दिता अशेंय तिणें सांगलें आनी सगळ्यांनी पुस्तक वाचचें अशें तिणें सांगलें. ह्या संदर्भार डॉ स्मिता संजगिरी (प्राचार्य, जीव्हीएमच्या जीजीपीआर कॉलेज ऑफ कॉमर्स अँड इकोनॉमिक्स, फोंडा) आनी डॉ.स्नेहा भागवत (संस्थापक, ऊर्जा वेलनेस आनी सीईओ आनी गोवा कॉलेज ऑफ नेचुरोपॅथी अँड योगिक सायन्सेसाचे सीईओ आनी कार्यकारी संचालक) लेखक मडकईकर आनी हाजीर आशिल्ले.

"Rewriting Her Story" हें एक प्रेरणादायक आनी व्यक्तीमत्व परिवर्तन पुस्तक आनी बायलां खातीर, खास करून मध्य करिअर आव्हानांक, करिअर आनी आवयपण हांचे मदल्या संघर्शांक आनी अस्मिताय संकश्टांक तोंड दिवपी बायलां खातीर एक मार्गदर्शक. जिणेंत स्पश्टताय, आत्मविस्वास मेळोवपाक आनी चड उद्देशपूर्ण आनी समतोल जिवीत तयार करपाक वाचप्यांक उपेगी विचार आनी वेव्हारीक पद्दती ह्या पुस्तकांतल्यान मेळटात.

प्रा.संजागिरी आनी डॉ भागवत हांणी आपले विचार उक्तायतना जिणेचो अर्थ सोदून काडपाक हें पुस्तक प्रेरणादायी अशें म्हणले.  रतीश नायक आनी डॉ.अक्षदा होन्नावर हांणी पुस्तकाचेर टिप्पणी केली.

गोय राज्यातल्या सगळ्या सरकारी, अनुदानित आणि विनाअनुदानित शाळांनी  Child Helpline क्रमांक  1098 सादर करप सक्तीचें आसा  असो निर्देश शिक्षण संचालनालयान दिला . 1098 हो हेल्पलायन क्रमांक  वेगवेगळ्या मुखेल सुवातेर, शाळांनी आनी हेर भौशीक सुवातेर दाखोवचो' असो आवाहन शिक्षण संचालनालयान केल्यात.हे संबंदीं देशांतल्या 'लैंगिक गुन्यांवांतल्यान भुरग्यांची

राखण' (पोस्को) कायद्या संबंदीत भुरग्यांच्या बलात्कार प्रकरणांत भिरांकूळ वाड जाल्ल्याची सेव्च्या दखल सर्वोच्च न्यायालयान घेतल्या अशी म्हायती मेळ्ळ्या.

सरकारान बेकायदेशीर रितीन विधानसभा अधिवेशनांत आळाबंदा हाडला. हाका लागुन कलम 39 अ सयत गोंयच्या महत्वाच्या प्रस्नांचेर चर्चा करपाक मेळुंक ना असो आरोप काँग्रेस फुडारी सुनील कवठणकर हांणी केला. सरकारान आचारसंहितेचो उल्लेख केला, पूण उपवेंचणुको आसून लेगीत महाराष्ट्रांत अधिवेशन चालू आसात अशें तांणी नदरेक हाडलें. अशे तरेन अर्थसंल्प संमत करप म्हणल्यार बेकायदेशीर प्रक्रिया असो दावो तांणी फुडें केला.

जाल्यार सरकाराचो सुमार 70-80% खर्च पगार, पेन्शन आनी हेर गरजेंच्या बाबींखातीर खर्च जाता अशें काँग्रेसीचो फुडारी तुलिओ द सोझा हांणी सांगलें. भारतीय रिझर्व्ह बँक आनी हेर वित्तीय संस्थां वरवीं रिणां घेतिल्ल्यान सरकारी तिजोरीतल्या पैशांचो व्हड वांटो व्याज फारीक करपा कडेन वता आनी उदरगतीच्या कामां खातीर फकत सुमार 20-25% उरतात अशें तुलियो हांणी म्हणला.

हे शिवाय रेव्हुलेशनरी गोवन्स पक्षाचे आमदार विरेश बोरकार हांणी सांगलें, की 39 ए - च्या कलमिवीशी सभाघरात चर्चा करून हे वीशी फुडली कृती थारावपाचे आस्वासन दील्ले पुण

सभाघरात 30 मिनटां लेगीत चर्चा करपाक मेळ्ळी ना, ₹30 हजार कोटीचें अर्थसंकल्प चर्चा करिनासतना संमत जालें. स आमदारांनी ह्या कृतीचो निशेध केलो, बिल्डर लॉबीक सरकारान तेंको दिला असो आरोप केलो आनी वेंचणूक आयोगाक बरोवन राज्यपाला कडेन वचून खाशेलें अधिवेशन मागतले अशें विरेश बोरकरान म्हणला.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान अौंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे अौंश सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान अौंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे अौंश सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले

खेळ ४०

गोवा जीएसबी स्पोर्टस अँड चॅरिटेबल ट्रस्टच्या जीएसबी युनिटी कप क्रिकेट सर्दीत सीडी फाऊंटनहेड पंगडा न वस्ताद पण मिळ यले

. निमाने खेळात तानी डेझर्टस एन मोअर अव्हेंजर्स पंगडाचेर १९ धावांनी जैत जोडले. हो खेळ मडगाव क्रिकेट क्लबच्या डॉ. राजेंद्र प्रसाद स्टेडियमवर जाला. बक्षीस वितरण सोहळ्यास सार्वजनिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत उपस्थित आशील्ले .